आकाशवाणी पणजी
प्रादेशिक खबरो

30.04.2025 7.20 PM

केंद्र सरकारान फुडली जनगणना जातीनिहाय करपाचो निर्णय घेतला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या येजमानकेखाला आयज नवी दिल्लींत जाल्ले मंत्रीमंडळाचे राजकी वेव्हार समितीचे बसकेंत हो निर्णय घेतला. म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी बसके उपरांत पत्रकारांक ही म्हायती दिली. जाती निहाय लोकसं ख्या पारदर्शकपणान समजून घेवप आनी समाजांत एकवट स्थापन करप हो हाचो हेतू आसा अशें ताणी सांगलें. इतले मजगती जातीय जनगणना केंद्रिय मंत्रिमंडळात मान्यताय दिल्या निर्णयाचे गोंय भाजपावतीन प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नाईक हांणी स्वागत केला. जातीय जनगणना कॉंग्रेसीन केन्नाच तेको दिंवक ना. ह्यानपयली 94 वर्सा पयली जातीय गणना जाल्ली. ते उपरांत भारताता केन्नाच जातीय गणना जांवक ना , मात आता प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ह्या विशयाक महत्व दिवन जातीय गणना करपाचो निर्णय घेतलो.ह्या गणनेचो निश्चीतुच भारताच्य भौसंख्य नागरीकांक फायदो जातलो. कॉंग्रीसीन मात जातीय गणनेच्य विशयाचेंर राजकारण केले, असोय आरोप दामोदर नायक हांणी पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार केला.

फाल्यां मुंबयच्या जियो वर्ल्ड कन्व्हेंशन सेंटरांत वेव्हज म्हळयार संवसारीक ऑडिओ व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिषद जाता प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या शिखर परिषदेचें उक्तावण करतले. वेव्स शिखर परिषदेचो हेतू भारताक संवसारीक मनरिजवण अर्थवेवस्थेंत वर्स 2029 मेरेन 50 अब्ज डॉलराची बाजारपेठ उक्ती करपाचो आसा. 4 दिसांच्या ह्या कार्यावळींतल्यान जागतीक माध्यम संवाद, खरेदीदार-विक्रेतो मेळप, उदयाक येवपी निर्मात्यां खातीर सत्रां आसतले..

हैदराबादच्या जवाहरलाल नेहरु तंत्रज्ञान युनिव्हर्सिटीतल्यान मल्टी मिडियांत पदवी मेळयल्ल्या अनवेश निस्तला फाल्यां सावन मुंबयंत जावपी संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर सभेत वांटो घेवपाची संद मेळ्ळया म्हूण खूब उत्सुक आसा.

अशा यशस्वी कथां विशी जाणून घेवपा खातीर आनी ह्या शिखर सभेतल्यान तुमकां किर्ते तरी मेळोवपा खातीर WAVES शिखर सभेक फोल्लोव करात.

कुंकळ्ळी मतदारसंघांतल्या उस्किणीबांद ते बाळ्ळी मेरेनच्या सोबितीकरण प्रकल्पाचें काम आमदार युरी आलेमांव हांचे हस्तुकीं बुधवारा सुरू केलें. लोकांची खूब आदीं सावन प्रलंबीत आशिल्ली मागणी आतां फळादीक जातली अशें विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव हांणी सांगलें. अपघात जावचें न्हय, म्हूण राज्यभरातले ‘ब्लॅक स्पाॅट्स’ पयस करपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.“ह्या प्रकल्पांत वॉकिंग ट्रॅक आनी लोकांक बसपाक बांक आसतले, जाका लागून सांजवेळा भोंवपाक आनी विसव घेवपाक योग्य सुवात मेळटली. थळाव्या लोकांचे जिणेचो दर्जो सुदारपा खातीर हो उपक्रम आकार घेतना पळोवन म्हाका आयज खोस जाता. लोकांच्या सहकार्याक लागून आयज तें घडत आसा, अशें आलेमांव हांणी सांगलें. ह्या कामा वांगडाच अपघात जावपी वाठाराचेर उपाय काडटले, अशें तांणी सांगलें. राज्यभर तरेकवार कारणांक लागून अपघात जायत आसात. हाका कांय ब्लॅक स्पॉट आनी इबाडिल्ली रस्तो अभियांत्रिकी जापसालदार आसा. हीं उदरगतीचीं कामां करतना ह्या प्रस्नांचेर उपाय काडटले, अशें आलेमांव हांणी सांगलें.

खुबशा तरणाट्यांक रस्तो अपघातांत मरण येता, हे खातीर सरकारान अपघात आळाबंद हाडपाची गरज आसा अशें आलेमांव हांणी सांगलें. हांवें हो विशय गंभीरतायेन घेतलो आनी विधानसभा अधिवेशन तशेंच हेर मळांनीय आवाज काडला. रस्त्यार किड्या सारके लोक मरत आसात. अपघात थांबपाक जाय,

अशें तांणी सांगलें.नव्या प्रकल्पा विशीं उलयतना तांणी सांगलें, लोक ताचो वापर भलायकी फायद्या खातीर करूंक शकतात. हो प्रकल्प चलपाक आनी भलायकी बरी दवरपाक उपेगी थारतलो. म्हजें कार्यालय हीं कामां योग्य वेळार जातात काय ना हाचेर नदर दवरून आसात आनी थारायिल्ल्या वेळांत तीं पुराय जातलीं असो म्हाका विस्वास आसा अशें आलेमांव हांणी सांगलें.

कामगार दीस

कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालयान मे. दिशा फांवडेशन हांच्या जोड पालवान फाल्या 1 मे 2025 दिसा सकाळी 10.00 वराचेर मॉडेल कॅरियर सेंटर ट्रेनिंग हॉल, कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालय, 4 थो माळो, श्रमशक्ती भवन, पाटो पणजी हांगा कामगार दीस कार्यावळीचें आयोजन केला.

हे कार्यावळींत मुख्यमंत्र्याच्या हस्तुकीं असंघटीत क्षेत्रातले स्थलांतरीत, घरकाम, उद्देगीक आनी नगरपालिकांच्या 20 कामगारांचो श्रमगौरव पुरस्कार भेटोवन सन्मान करपात येतलो.

तशेंच कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालयान कामगारांच्या कल्याणा खातीर कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालय, गोंय कामगार कल्याण मंडळ, बिल्डिंग आनी हेर बांदकाम कामगार कल्याण मंडळा वतीन अंमलबजावणी करपात येवपी विंगड विंगड येवजणांची म्हायती करून दिवपा खातीर साबार कडेन जागृताय कार्यक्रमाचे आयोजन केला. मे. कासा दे पोव्हो हॉल, ताळगांव, ओल्ड गोवा पंचायत सभाघर, थिवी उद्देगीक वसणूक सभाघर, कारसवाडा, उद्देजक संघटना सभाघर, दिवचल, मे. मेगावायड इन्फ्रास्ट्रक्चर प्रा. ली. मोपा, मडगांव नगरपालिका सभाघर, कवळे ग्रामपंचायत, जीआयडीसी सभाघर, वेर्णा उद्देगीक वसणूक आनी नाकेरी-बेतूल पंचायत सभाघर हांगा जागृताय कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

कामगारांनी जागृताय कार्यक्रमाक हजर रावन तांच्या कल्याणाखातीर राबोवपात येवपी येवजणांची म्हायती करून घेवची अशें कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालयान मागला.

काजू महोत्सव

17-18 मे ह्या काळात पणजे डी .बी बांदोडकर मैदानाचेर cashew fest season- 3 चे आयोजन केला. ह्यिनपयली 25-27 एप्रील ह्या काळात महोत्सवाचे आयोजन केल्ले.मात पहलगाम आकांतवादी हल्ल्याच्या फांटभुयेर हो महोत्सव रद्द केल्लो.आता ह्या महोत्सवाच्यो नव्यो तारख्यो गोंय रान म्हामंडळान जाहीर केला . गोंयची काजुची पिकावळ 450 हॅक्टर इतकी आसा .हातुंन आनी 280 हॅक्टर काजुची पिकावळ वाडोवपाची मोख रान खात्यान दवरला जाल्यार फुडारात आनीक 1500 हॅक्टर जमीन काजु पिकावळी सकयल रान खाते हाडटले. हातुन साश्टी,तीसवाडी तशेच बार्देश म्हालांनी काजीची पिकावळ वाडोवपाची मोख दवरल्या अशी म्हायती गोय रान म्हामंडळाची अध्यक्षा आनी पर्येची आमदार देवीया राणे हीणे दील्या.

तशेच रान खात्यान गोंयच्या काजुची 80 हजार रोपे तयार केल्यात ,हातुल्ली 60 हजार रोपे रान म्हामंडळ ते रोयतले अशे देवीया राणे हांणी सांगले.

ह्या महोत्सवात मुट्ट्याचो रोस काडपाची प्रक्रीया,काजु बीयो भाजपाची प्रक्रीया,काजुची शेती कशी करप ते वीशी मार्गदर्शन आनी किजुचे मार्केटींगवीशी खासा मार्गदर्शन सत्रांचे आयोजन केला.गोयच्या काजुची ओळख आंतरराश्टीय पावंड्याचेर करपाक ह्या महोत्सवाचे आयोजन सरकार करता.

120 समर्थ एक्स ई-गोव्ह प्लॅटफॉर्मा

गोंय राज्य उच्च शिक्षण मंडळान राज्य शाळा शिक्षण वेवस्थेंत समर्थ एक्स ई-गोव्ह प्लॅटफॉर्माची अंमलबजावणी सुरू केल्या. हो बहुउद्देशी मुखेल डिजिटल उपक्रम २०२५-२६ शिक्षणीक वर्सा सावन सुरू जातलो. गोंय राज्य उच्च शिक्षण मंडळान गोंयांतल्या सगल्या म्हळयार वट्ट १ हजार ४८० शाळांक समर्थ एक्स ई-गोव्ह पोर्टलाचेर ऑनबोर्ड घेवपाची येवजण आंखल्या. डिजिटल एकीकरणाच्या प्रक्रियेतल्यान राज्यभरांतल्या शाळांनी प्रशासकीय आनी शिक्षणीक प्रक्रिया सोपी आनी सुलभ जावची ही मोख दवरून हे काम मुखार वतले अशे गोवा राज्य समर्थ ई-गव्ह प्रकल्प संचालक डॉ. महादेव गांवस हांणी सांगला. राज्यातल्या सरकारी आनी अनुदानित शाळा मुखेल्यानी आनी संगणक शिक्षकांनी ५ ते ९ मे मेरेन जावपी प्रशिक्षण कार्यावळीत सहभागी जावंचे अशे आवाहन उच्च शिक्षण संचालनालयान केला. ह्या प्रशिक्षण कार्यशाळांचें सविस्तर वेळापत्रक आनी सुवात सगळया शाळांक धाडून दिल्या अशे ह्या विशीच्या खबरेत म्हळा.

गोंयांत इव्ही चार्जिंग इन्फ्रास्ट्रक्चर मॉडे मंजुर जाला. सरकार 50- टक्के जाल्यार चार्जिंग स्टेशन डेव्लपराकडल्यान 50 टक्के खर्च उबारपाच्या अटीचेंर हो मॉडेल मंजुर जाला.

सौर उर्जा, बायोगॅस, तशेचं उदक तापोवपाच्या प्रकल्प चालीक लावपाखातीर अक्षय उर्जा विस्तारीत धोरण चालीक लावपाचो निर्णय ह्या बसकेत जाला. सरकारी इमारतीत सच्या कामाखातीर लागपी उर्जा सैमिक स्त्रोताल्यान तायर करुन तीचो उपेग करपाचो निर्णय लेगीत ह्या बसकेत जाला. गोंयचे पाचवेचारपणा सामाळटाना हरीत उर्जेचो उपेग करपाक सरकार महत्व दिता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

हे विंशी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या ध्यक्षतायेखाला मंगळारा बसका जाली. ह्या वेळार वित्त खाते, गृह खाते, प्रदुशण नियंत्रण मंडळ, आनी

समाज कल्याण मंत्री श्रीसुभाष फळदेसाई हाणी अक्षय तृतीयाच्या शुभ निमतान महामहोपाध्याय श्री देवदत्त पाटील हांच्या फुडारपणाखाल श्री विद्या पाठशाळेचो बुन्यादी फातर बसयलो . ह्यावेळार हेर मानेस्त हाजिर आशिले . ही पाठशाळा पुर्विल्ल्या, इतिहासीक भूंय रिवोनात आसा . ह्या श्रीविद्या पाठशाला 'ऋशिवान' हे पवित्र भुंयेर शास्त्राध्यायन कार्यावळ चालीक लायता, थंय चलयोय शास्त्रविद्या शिकतात. नव्या इमारती वांगडा श्रीविद्या पाठशाला एक पवित्र गुरुकुल म्हूण उदेतली आनी ह्या प्रदेशांतल्या 'ऋषिवान'चो दायज परतून जिटो करतलो आनी तरणाट्यांक शास्त्रांनी समृध्द करतली हाची खात्री आसा अशे मंत्री फळदेसाई हाणी सांगले .

मुरगांव मतदार संघातल्या भितरल्या मार्गांच्या हॉटमिक्सिगांचें काम पावसा पयली पुराय जातलें म्हणपाची म्हायती थाळावो आमदार संकल्प आमोणकार हाणें दिल्या. मुरगांव मतदार संघातल्या सडा वाठारांत भितरल्या मार्गांच्या हॉटमिक्सिंगाच्या कामाक आयज सुरवात केल्या उपरान्त उलयताना आमदार आमोणकार हाणें म्हळा, की भितरल्या मार्गांकडे फाटली कांय वर्सा दुर्लक्ष जाल्ल्या कारणान ते सामके इबाडल्या. ताका लागून पावसाच्या दिसांनी थाळाव्या लोकांक खूपच त्रास जाताले. गोंय सरकारान हातुंत लक्ष घालून भितरल्या सगळया मार्गांचें हॉटमिक्सिंग करपाचो निर्णय घेतिल्ल्यान आता हो प्रश्न सुटावो जाला अशें मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार हाणें म्हळा.

## नाविकांक कळोवणी मांडवी न्हंयत पेंवपा सर्तीचें आयोजन 100

गोंय स्विमिंग असोसिएशनान (मडगांव) फाल्या ता. 1 मे 2025 दिसा मांडवी न्हंयत चोडण जेटी ते रायबंदर जेटी मजगती सकाळी 8.00 ते 9.30 वरां मजगती उकती पेंवपा सर्त आयोजीत केल्या. ते खातीर मांडवी न्हंयत वयल्या सुवाती मजगतीच्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळयों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी पेंवपा सर्तीक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हूण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

## 4 मे दिसा पोरणो जुवारी पूल येरादारीक बंद

एनएच-66 वयल्या पोरण्या जुवारी पुलाच्या डॅक पातळीची तपासणी आनी नोंद करपाच्या कामाखातीर ता. 4 मे 2025 दिसा सकाळी 6.30 ते 9.30 वरा मेरेन पोरणो जुवारी पूल सगळयां प्रकारच्या येरादारी खातीर बंद आसतलो. वयल्या काळांत येरादारी नव्या पुलावयल्यान वळोवपात येतली.

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान राज्यांतली गरमी वाडल्या.पणजेचें तापमान चडांत चड ३५.५ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २8 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां. हवामान खात्यान फुडल्या सात दिसांखातीर राज्यांत चडांत चड तापमान ३५ तें ३६ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान २६ तें २७ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास .फुडल्या ३ तें ४ दिसांत राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.